Panaji

National News

14 April 2026,6.30pm

<u>प्रधान मंत्री</u>

उत्तराखंडांत वर्सभर पर्यटनाक चालना दिवपाचें म्हत्व प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी उक्तायलां. शिंयाळयांतल्या पर्यटन, गिमाच्या खेळां खातीर, राज्याची वाडत वचपी लोकप्रियता तांणी उजवाडायली आनी देवभूमिंत नितळसाण सांबाळपाचोय उलो मारलो. देहरादूनांतल्या दिल्ली-देहरादून अर्थीक मार्गाच्या उक्तावण कार्यावळींत उलोवप करतना श्री मोदी हांणी सांगलें.

<u>नारी शक्ती</u>

जेन्ना बायलो धोरण तयार करपाक आनी निर्णय घेवपाक सक्रीय वांटेकार जातात तेन्ना 2047 मेरेन विकसीत भारता कडेन वचपाचो प्रवास घट जाता अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां.भारताच्या नारी शक्ती कडेन बरयल्ल्या पत्रांत श्री मोदी हांणी सांगलें की फुडल्या दोन दिसांनी म्हणल्यार 16 एप्रीलाक संसद परतून एकठांय येवन नारी शक्ति वंदन अधिनियमा संबंदीत म्हत्वाच्या घटनात्मक दुरुस्तीचेर चर्चा करतले. हो कायदो सभाघरांत संमत जातलो अशी आस्त तांणी उक्तायली. विकसीत भारत उबारपाक योगदान दिवपाची चड घट संद मेळिल्ल्यान राष्ट्रभरांतल्या बायलांक खोस उक्तायल्या अशें तांणी सांगलें. Byte

<u>नीतीश कुमार</u>

बिहाराचे मुखेलमंत्री नीतीश कुमार हांणी आयज आपल्या पदाचो राजिनामो दिलो . राज्यपाल लेफ्टनंट जनरल (निवृत्त) सैयद अता हसनैन हांचे कडेन आपलो राजिनामो औपचारीकपणान सादर करपा खातीर तांणी राजभवनाक भेट दिली. राजिनामो मान्य करून राज्यपालान ताका नवे सरकार तयार जायसर काळजीवाहू मुखेलमंत्री म्हणून चालू दवरपाचो निर्देश दिलो.

सम्राट चौधरी

भारतीय जनता पक्षाचे आमदार सम्राट चौधरी बिहारांत भाजपा विधीमंडळ पक्षाचे फुडारी म्हणून वेंचून आयिल्यात . पाटणांत भाजपा विधीमंडळ पक्षाचे बसके उपरांत ही घोशणा केल्या.

टपाल खाते

देशाचो लोकशाय आनी राश्ट्रीय प्रवास सांबाळपाक आनी सादर करपाक सहकार घटमूट करपा खातीर टपाल खात्यान आनी प्रधानमंत्री संग्रहालय आनी ग्रंथालयान सामजीकायेच्या कबलातीचेर सयो केल्या. संग्रहालयाच्या स्थापणूक दिसा निमतान आयज प्रधानमंत्री संग्रहालयांत हि काबालात जाली .

ह्या वेळार संचारण मंत्री ज्योतिरादित्य सिंधिया हांणी नवी दिल्लींत एक भारत, श्रेष्ठ भारत: ह्या प्रदर्शनाचेंय उक्तावण केलें.

आंबेडकर आर्गा

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी बाबासाहेब डॉ बी.आर. आंबेडकर हांका गुजरातांतल्या गांधीनगर हांगाच्या लोकभवनांत ताच्या जयंती दिसा आर्गा ओपली . उपराष्ट्रपती सी पी राधाकृष्णन, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला, राज्यसभेंचे विरोधी पक्ष फुडारी मल्लिकार्जुन खर्गे, केंद्रीय मंत्री आनी संसद वागड्यांनी संसदेच्या आवारांतल्या प्रेरणा स्थानांत डॉ बी आर आंबेडकराक श्रद्धांजली दिली,

पोशन ट्रॅकर

पोशन ट्रॅकर अभियाना खाला 14 लाखां वयर आंगनबाडी केंद्रां आनी सुमार णव कोटी लावार्थ्यांचेर नदर दवरता. पोशान अभियान हें भारताचें मुखेल राष्ट्रीय पोशण मिशन आसा जें अभिसरण, तंत्रगिन्यान आनी समुदाय एकठांय करपाच्या माध्यमांतल्यान पोशण परिणाम सुदारपाचेर लक्ष केंद्रीत करता. 2021 वर्सा सुरू जाल्लो पोशान ट्रॅकर मुळाव्या साधनसुविधा आनी सेवा दिवपाचेर नियंत्रण दवरपा खातीर मुखेल शासन साधन म्हणून काम करता.

## बैसाखी शुभेच्छा

बैसाखी, विशु, विशुव, बोहाग बिहू, पोयला बोयशाख, मेशादी, वैशाखाडी आनी पुठंडू ह्या शुभ निमतान भारतांत आनी परदेशांत रावपी सगल्या नागरिकांक राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आनी उपराष्ट्रपती सी पी राधाकृष्णन हांणी शुभेच्छा दिली.